**Panaji national news 14.09.2025 6.30pm**

## बांबू आदारीत बायो रिफायनरीचें उक्तावण

भारत उर्जा क्षेत्रांत आत्मनिर्भर जावपाच्या मिशनाचेर आसा आनी परकी इंधनाचेर आदारून रावप उणें करपाक लागला अशें प्रधानमंत्री श्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. तांणी आयज दनपारां गोलाघाट जिल्ह्यांत भारतांतल्या पयल्या बांबू आदारीत बायो रिफायनरीचें उक्तावण केलें.बायो इथेनॉल प्लांटाच्या उक्तावण निमतान व्हड भौशीक रॅलीक संबोधीत करतना पीएम हांणी सांगलें की भारत आपल्या खोल उदका उर्जा संसाधनांचो फायदो घेतलो आनी उर्जा आत्मनिर्भरताय घटमूट करतलो आनी हो बायो इथेनॉल प्लांट त्या ध्येया कडेन एक पावल आसा. सौर उर्जेच्या मळार भारत पयल्या पांच राश्ट्रां मदीं आसा अशी म्हायती प्रधानमंत्र्यान दिली.

## हिंदी दिवस प्रधानमंत्री □रबीं

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज हिंदी दिवसाच्या निमतान देशांतल्या लोकांक परबीं दिली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री मोदी हांणी सांगलें, हिंदी फकत संवादाचें माध्यम न्हय, तर देशाची अस्मिताय आनी मुल्यांचें एक जिवंत दायज. संवसारीक मळार हिंदी भाशेचो वाडत आशिल्लो मान हो राष्ट्रा खातीर अभिमानाची आनी प्रेरणेची गजाल अशेंय तांणी उक्तायलें. तशेंच सगळ्या भारतीय भासां वांगडा हिंदीचो संकल्प आनी समृध्दी करपा खातीर नागरिकांनी एकठांय येवन फुडल्या पिळग्यांक अभिमानान पावोवपाचो उलो श्री मोदी हांणी केला.

## गृहमंत्री अमित

गृहमंत्री अमित शाहान हिंदीक काळा प्रमाण चड लवचीक करपाची आनी प्रादेशिक भाशां कडेन ताचें सहअस्तित्व वाडोवपाची गरज आसा हाचेर भर दिलो.गांधीनगरांतल्या महात्मा मंदिरांत हिंदी दीस आनी पांचव्या अखिल भारतीय राजभाषा सम्मेलनाचें उक्तावण करतना मंत्रीमंडळान नागरिकांनी

आवयभाशेचो आदर करचे आनी तेच बरोबर हिंदीकय तेंको दिवचो असो उलो मारला.हिंदीक चड सुलभ करपा खातीर केंद्र सरकारान सारथी प्लॅटफॉर्म आनी हिंदी शब्द सिंधु कोश सारके उपक्रम सुरू केल्यात अशें तांणी सांगलें. हिंदी फकत संवादाची भास उरची न्हय, पूण विज्ञान, तंत्रगिन्यान, न्याय, पुलीस हांचीय भास जावंक जाय अशें तांणी रेखांकित केलें ह्या संदर्भार श्री शाहान २०२९ मेरेन हिंदी शब्द सिंधु कोश हो संवसारांतलो सगळ्यांत व्हडलो विश्वकोश जातलो असो विस्वास उक्तायलो. तशेंच गुजरातान हिंदी वांगडाच थळाव्या भासांचो प्रचार करून एक प्रेरणादायक देख दाखयल्या अशें तांणी नदरेक हाडलें.

**संरक्षण मंत्री**

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग दोन दिसांच्या कोलकाता भोंवडेर पावला. फाल्यां प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी उक्तावण जावपी संयुक्त सेनापती परिशदेक आपूण हाजीर रावपाची म्हायती श्री सिंग हांणी सोशल मिडिया पोस्टांत दिल्या. अंदूच्या परिशदेंत सुदारणा, परिवर्तन, बदल आनी कार्यकारी तयारी हांचेर भर दितले अशें तांणी सांगलें.

**उद्देग मंत्री ीयूष**

2047 मेरेन भारत तीस ट्रिलियन डॉलर अर्थवेवस्थेचें राष्ट्र जातलें अशें वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी सांगलां.आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या खाजगी माध्यम संघटनेच्या वर्सुकी परिशदेंत श्री गोयलान अशें सांगलें. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या फुडारपणा खाला चलनवाड नियंत्रणांत आसा हाचेर भर दितना मंत्री हांणी सांगलें की, 2014 वर्सा सत्तेर येतना खर्च नियंत्रण सरकाराचें प्राधान्य आशिल्लें.भारताच्या वित्तीय आनी चलन धोरणाचेर सतत नदर दवरपाचें काम भारतीय रिझर्व्ह बँकेक दिल्लें अशें श्री गोयलान सांगलें.सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देगांक (एमएसएमई) आदार दिवपा खातीर सरकारान केल्ल्या यत्नांचेरूय मंत्रीन भर दिलो. नेक्स्ट जनरेशन जीएसटी सुदारणांक लागून त्रास उणो जाला आनी कर वेवस्था सोपी जाल्या अशें तांणी रेखांकित केलें.

**ओम बिर्ला**

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हांणी आयज आंध्र प्रदेशांतल्या तिरुपाटी शारांत बायलां सशक्तीकरणा विशीं संसदीय आनी विधी समिती विशींच्या दोन दिसांच्या राष्ट्रीय परिशदेचें उक्तावण केलें. तशेंच तांणी एका प्रदर्शनाचें उक्तावण केलें आनी ह्या निमतान एक यादस्तीक उजवाडायलो.."लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्लान राष्ट्राची प्रगती फकत बायलांचो समान सहभागान शक्य आसा अशें भर दिला. उक्तावण राष्ट्रीय बायलां सशक्तीकरण परिशदेंत उलयतना तांणी सांगलें की बायलांच्या उदरगतीक आदार दिवपाक जायत्यो संदी निर्माण जाल्यात. विधीमंडळांतल्या बायलांक 33 टक्के आरक्षणाची खात्री करपी कायदो पयलींच कायदो केला अशें सभापतीन भर दिलो."

**हवामान**

भारत हवामान खात्यान फुडल्या दोन ते तीन दिसांत उपहिमालयन अस्तंत बंगाल, बिहार, झारखंड, मध्य प्रदेश, विदर्भा, ओडिशा आनी छत्तीसगड हांचेर एकसुरे सुवातेर पावस पडपाचो अदमास काडला. फाल्यां मेरेन हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड, गोंय आनी मध्य महाराष्ट्राचेर अशीच परिस्थिती येवपाची शक्यताय आसा. तशेंच फुडले 2 दीस तमिळनाडू, आंध्र प्रदेश, तेलंगना आनी कर्नाटकाचेर गडगड आनी वादळी वारें हांचे वांगडा हळुवार ते मध्यम पावस पडपाचो अदमास हवामान एजन्सी कडल्यान उक्तायला.